**24 व्या कोंकणी युवा साहित्य संमेलनाच्या आयोजना खातीर प्रस्ताव मागयल्यात**

ता. 3 नोव्हेंबर 2023

तरणाट्या बरोवप्यांक विंगड विंगड साहित्य प्रकार केळोवपाखातीर योग्य मार्गदर्शन मेळचें आनी तांचे मदल्यान प्रतिभावान साहित्यिक तयार जावचे ह्या उद्देशान गोवा कोंकणी अकादमी दर वर्सा युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाचे आयोजन करता. सुमार अडेचशे ते तीनशें तरणाटे लेखक ह्या संमेलनात वांटो घेवन कथा, कविता, निबंध, प्रवास वर्णन, पटकथा लेखन अशा जायत्या विशयांचेर जाणकारां कडल्यान मार्गदर्शन घेतात. आयज मेरेन अशीं बावीस संमेलनां गोंयच्या वेगळ्या वेगळ्या वाठारांनी जाल्यांत आनी तांचे आयोजन करपाक म्हाविद्यालयां तशेंच शिक्षणीक आनी सांस्कृतीक संस्थांनी जोड आयोजक म्हूण सहयोग दिला.

23 वें कोंकणी युवा साहित्य संमेलन जानेवारी/फेब्रुवारी 2024 त जातलें आनी ताच्या जोड आयोजनाची जापसालदारकी मिरामारच्या साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयान घेतल्या. दर वर्सा संमेलनाच्या समारोप सुवाळ्यांत फुडल्या संमेलनाच्या जोड आयोजकां मेरेन संमेलनाचो लामणदिवो पावोवपाची चाल आसा. त्या खातीर 23 वें युवा संमेलन संपन्न जावचे आदीं संमेलन आयोजन समिती 24 व्या युवा संमेलनाचे जोड आयोजक संस्थेची निवड करपाची आसा. ज्या म्हाविद्यालयांक तसेंच शिक्षणीक आनी सांस्कृतीक संस्थांक 2024-25 वर्सात जातल्या 24 व्या कोंकणी युवा साहित्य संमेलनाचे जोड आयोजक जावपाची इत्सा आसा त्या संस्थांनी लिखित स्वरूपांत आपलो प्रस्ताव धाडचो.

तशेंच युवा लेखकांक विंगड विंगड साहित्यिक प्रकार लेखनाचे मार्गदर्शन मेळचें ह्या उद्देशान गोवा कोंकणी अकादेमी ह्या संमेलनाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत एका तरणाट्या बरोवप्याच्या पयल्या पुस्तकाचें प्रकाशन करपाची येवजण आसा. ज्या युवा लेखकांक आपलें पुस्तक ह्या संमेलनात उजवाडाक येवचें अशें दिसता तांणी आपल्या प्रस्तावित पुस्तकाची हस्तलिखित/टंकलिखित एक प्रत 20 नोव्हेंबर 2023 मेरेन konkaniakademi@gmail.com ह्या ईमेल नाम्याचेर वा गोवा कोंकणी अकादेमीची कचेरी, 5 वो माळो, गोवा संचार भवन, बी. एस. एन. एल. बिल्डिंग, पाटो प्लाझा, पणजी हांगा लिखित स्वरूपात आपलो प्रस्ताव धाडचो अशें आवाहन गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष श्री. अरूण साखरदांडे हांणी केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/865

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity, Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.